**PANAJI NATIONAL NEWS**

**20.03.2025** **6.30pm**

**बिल गेट्स**

विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ जितेंद्र सिंगान आयज नवी दिल्लींत मायक्रोसॉफ्टचे सहसंस्थापक बिल गेट्स हांचे कडेन खाजगी क्षेत्राचो विस्तार आनी स्टार्टअपांत वांटो घेवपा विशीं चर्चा केली. डॉ. श्री गेट्सान भारताच्या जैवतंत्रज्ञानाच्या प्रगतीची तोखणाय करून लस तयार करपाच्या मळार भारतान फुडाकार घेतिल्ल्याची वळख करून दिली, तातूंत एच पी व्ही आनी कोवीड-19 लस तयार जावपाक कारणीभूत जाल्ल्या भागीदारीचो आस्पाव आसा. क्षयरोग, मलेरिया सारकिल्या दुयेंसांक तोंड दिवपाच्या भारताच्या यत्नांक आदार दिवपाचीय तांणी इत्सा उक्तायली. देशांतली संशोधन पर्यावरण यंत्रणा संवसारीक भलायकी सुदारणां खातीर अफाट संद दिता अशें श्री गेट्स हांणी सांगलें.डॉ सिंग आनी श्री गेट्स हांणी देशांतल्या जैवतंत्रज्ञानाच्या स्टार्टअप उदरगतीचेरूय भासाभास केली, आतां ह्या क्षेत्रांत धा हजारां वयर स्टार्टअप काम करतात.

**गृहमंत्री**

नरेंद्र मोदी सरकार नक्सली लोकां आड निर्दय पद्दतीन मुखार वता अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान सांगलां. सगळ्यो सुविधा आसून लेगीत शरण वचनाशिल्ल्या अतिरेकी लोकां आड सरकार शून्य सहिश्णुताय धोरण आपणायता अशें श्री शाहान सांगलें. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री शाहान सांगलें, आयज देशाच्या सैनिकांनी नक्सल मुक्त भारत अभियानाचे दिकेन आनीक एक व्हड यश मेळयलां. श्री शाहान सांगलें, फुडल्या वर्सा 31 मार्च मेरेन देश नक्सल मुक्त जावपाचो आसा

**प्रॉव्हिडंट फंड**

कर्मचारी प्रॉव्हिडंट फंड ऑर्गनायझेशनान (ईपीएफओ) अंदू जानेवारींत 17 लाख 89 हजार वांगडी जोडले. डिसेंबर 2024 वर्साच्या तुळेंत निव्वळ वांगड्यांत 11.48 टक्क्यांनी वाड जाल्या. ईपीएफओच्या म्हणण्या प्रमाण जानेवारी 2025 वर्सा सुमार 8 लाख 23 हजार नवे वांगडी जोडले.नव्या पगाराच्या आंकड्यां प्रमाण 18 ते 25 वर्सां पिरायेच्या गटांत चार लाख 70 हजार नवे वांगडी जोडले. ह्याच म्हयन्यांत सुमार 2 लाख 17 हजार नवे बायल वांगडी जोडले अशेंय आंकडेवारींतल्यान स्पश्ट जालां.

**संरक्षण मंत्री**

टी-90 टँक, वरुनास्त्र टार्पीडो आनी एअरबोर्न अर्ली वार्निंग आनी कंट्रोल एअरक्राफ्ट प्रणालीं खातीर 1350 एचपी इंजिनां खरेदी करपा खातीर सरकारान मात्शें मुखार सरलां. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज संरक्षण संपादन मंडळाचे बसकेंत ही मान्यताय दिल्या. हे खरेदी खातीर 54 हजार कोटी रुपयां परस चड खर्च येतलो.संरक्षण मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण भारतीय सैन्या खातीर टी-90 टँकां खातीर सद्याचें 1000 एचपी इंजिन अपग्रेड करपा खातीर 1350 एचपी इंजिनाची खरेदी करतले. हाका लागून खास करून उंचायेच्या वाठारांनी ह्या टँकांची झुजाच्या मैदानांतली हालचाल वाडटली. भारतीय नौदलाखातीर वरुनास्त्र टार्पीडो (Combat) खरेदी करपाक डीएसी कडल्यान मान्यताय मेळ्ळी. वरुनास्त्र टार्पीडो हो देशी विकसीत केल्लो जहाजांतल्यान उडयल्लो पाणबुडीविरोधी टार्पीडो आसून तो नौदल विज्ञान आनी

तंत्रज्ञान प्रयोगशाळेन तयार केल्लो आसा. हो टार्पीडो सुरू केल्यार विरोधकांच्या पाणबुडीच्या धोक्यांक लागून नौदळाची तांक वाडटली.

**पॅरालिंपिकांत**

खेळ आनी तरणाटे वेव्हार मंत्री डॉ. ह्या संदर्भार उलयतना डॉ मंडाविया हांणी देशभरांतल्या खेळांची वाड आनी उदरगत वाडोवपाक खेळो इंडिया उपक्रमाचें म्हत्व सांगलें.खेळो इंडिया कार्यावळी खाला भारतांतल्या खेळां पर्यावरण प्रणालीची नेटान उदरगत जायत आसा आनी ताका लागून खेळगड्यांची कामगिरींत म्हत्वाची सुदारणा जाल्या अशें खेळां मंत्र्यान सांगलें. पॅरिसांत जाल्ल्या निमाण्या पॅरालिंपिकांत भारतीय खेळगड्यानी 29 पदकां मेळोवन अपवादात्मक कामगिरी केल्ल्याचें तांणी भर दिलो. खेळो इंडिया पॅरा गेम्स २०२५ त वांटो घेवपी पॅरा खेळगड्यांकय तांणी शुभेच्छा दिली.

खेळो इंडिया पॅरा गेम्स हो खेळो इंडिया मिशनांतलो एक मुखेल भाग आसून, प्रतिभावान खेळगड्यांक आपली कुशळटाय दाखोवपाक आनी उंचेल्या पांवड्यार सर्त करपाक एक मंच मेळटा.ही कार्यावळ आयज सावन ह्या म्हयन्याचे 27 मेरेन दिल्लींत जातली. पॅरा आर्चरी, पॅरा एथलेटिक्स, पॅरा बॅडमिंटन, पॅरा पॉवरलिफ्टिंग, पॅरा शूटिंग, पॅरा टेबल टेनिस ह्या स विशयांनी 1300 परस चड पॅरा खेळगडे सर्त करतले.